# रिअर ॲडमिरल संदीप बिच्छा नौदळ महाविद्यालयाचे नवे कमांडन्ट

ता. 29 नाव्हेंबर 2017
8 मार्गशीष 1939

रिअर ॲडमिरल संदीप बिच्छा हांणी आयज गोंयच्या आयएनएस मांडवी तळाचेर जाल्ल्या संचलन सुवाळ्यात रिअर ॲडमिरल मोन्टी खन्ना (एव्हीएसएम) हांचे कडल्यान नौदळ महाविद्यालयाचे तीसरे कमांडन्ट म्हुण ताबो घेतलो.

रिअर ॲडमिरल संदीप बिच्छा हे नौदळ अकादमीचे विद्यार्थी. ते 21 जूलय 1986 वर्सा भारतीय नौदळात भरती जाले. ते नौपरिवहन विशेषज्ञ आसून तांणी आयएनएस विजय, विद्यागिरी, राजपूत आनी मांडवी तळाचेर कमांडिग ऑफिसर म्हुण काम केला. तांणी वेगवेगळ्या नौदळ सुरक्षा विभागांनी प्रशिक्षण घेतला. तशेंच तांणी लंडनातल्या उच्चायुक्तात नौदळ सल्लागार अधिकारी पदाचेर काम केला. 16 मार्च ते 28 नोव्हेंबर 2017 मेरेन ते गुजरात नौदळ विभागाचे ध्वजाधिकारी आशिल्ले.